# गोंयच्या  राजभवनाचे  “लोकभवन” म्हूण नामकरण

ता. 18 डिसेंबर 2025

19 डिसेंबर 2025 सावन गोंयचे राजभवन हे गोंयचे “लोकभवन” म्हूण वळखुपात येतले. देशभरातल्या राजभवनांचे अशें नामकरण करपात येतले. गोंय मुक्ती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हे नामकरण जाता. हो बदल परकीय युगाच्या परिभाषेच्या फुडलें कल्पक आनी विचारपुर्वक पावल आसा आनी आमच्या लोकशाय प्रजासत्ताक मुल्यांनी रूजलेल्या शास्त्रीय परिभाषे कडेन आमची वचनबद्दताय मजबूत करता. “लोकभवन” म्हळ्यार लोकांचे घर, जे पारदर्शकता, समावेशकताय आनी गोंयच्या नागरिकांच्या सेवेतल्या आमच्या स्थिर समर्पणाचे प्रतिक जावन आसा. लोकभवन हे लोकसेवेच्या वचनबद्दतेचे प्रतिनिधित्व करता, ज्या संस्थेविशीं प्रत्येक नागरिकाच्या मनात आपलेपणाची भावना आसा. लोकभवन खरेंपणी लोकांखातीर, लोकांबरोबर आनी लोकांच्या सेवे खातीर काम करता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/969

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.